०२.०९.२०२६ सकाळी ८.४० वरां

राष्ट्रीय खबरो

आयज शिक्षक दीस मनयतात. शिक्षक आनी शिक्षणतज्ञांनी आपलें गिन्यान अद्ययावत दवरचें, तंत्रगिन्यान आपणावचें, आनी अभिनव शिकोवपाच्यो पद्दती आपणावच्यो अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी सांगलां.

ह्या निमतान राष्ट्रपती मुर्मू आयज सकाळीं नवी दिल्लींत 48 शाळेच्या शिक्षकांक 'राष्ट्रीय शिक्षक पुरस्कार' भेटयतल्यो. वेंचून काडिल्ले 48 शिक्षक 27 राज्यां, सात केंद्र शासित प्रदेश, आनी स केंद्र सरकारी संस्थांतले आसात.

आयज नवी दिल्लींत जावपी 'श्री राम कॉलेज ऑफ कॉमर्स' (एसआरसीसी) च्या शंभराव्या वर्सुकी उत्सवांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी वांटो घेतलो.

उपराष्ट्रपती सी.पी.राधाकृष्णन आयज तमिळनाडूंतल्या चेन्नय शाराक भेट दिवन इंडिया वाल्व्स 2026 ह्या राष्ट्रीय शिक्षणीक बसकेंत वांटो घेतले.

नेपाळातल्या हुंवार पिडीत त्रिशुली बाजार वाठारातल्यान पाच वर्षांच्या भुरग्या सयत आनीक तीन भारतीय नागरिकांची सुटका केल्या अशे विदेश वेव्हार मंत्रालयान सांगला.

ह्या म्हयन्याच्या 9 आनी 10 तारखेक जावपी इंग्लीश, वाणिज्य, आनी समाजशास्त्रांतल्या यूजीसी-नेट परिक्षांचे प्रवेश कार्ड राष्ट्रीय चांचणी एजन्सी कडल्यान जारी केल्यात.

गुजरातांतल्या अहमदाबाद शारांत आयज संवसारीक तीरंदाजी पॅरा सीरीज 2026सुरू जाता.

शिक्षक आनी शिक्षणतज्ञांनी आपलें गिन्यान अद्ययावत दवरचें, तंत्रगिन्यान आपणावचें, आनी अभिनव शिकोवपाच्यो पद्दती आपणावच्यो अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी सांगलां. विद्यार्थ्यांच्या सुप्त प्रतिभेक पोसवण दिवपाक आनी मार्गदर्शना वरवीं तांचें चरित्र घडोवपाक शिक्षक आनी शिक्षणतज्ञांची म्हत्वाची भुमिका आसा अशे 'शिक्षक दिसा' निमतान आयज दिल्ल्या संदेशांत राष्ट्रपती मुर्मू हांणी सांगलें. समर्पीत आनी संवेदनशील शिक्षक विद्यार्थ्यां भितरली खाशेली क्षमता वळखुपाक शकतात, तांकां प्रेरणा दिवंक शकतात आनी उत्कृश्टताये

खातीर यत्न करपाक प्रोत्साहन दिवंक शकतात अशें ताणी नदरेक हाडलें. तशेंच आदले राष्ट्रपती डॉ. सर्वपल्ली राधाकृष्णन हाँका आर्गा ओपली. नामनेचे शिक्षणतज्ञ, लेखक, तत्वज्ञ, आनी आदले राष्ट्रपती राधाकृष्णन हांच्या जल्मदीसानिमतान दर वर्सा 5 सप्टेंबराक 'शिक्षक दीस' मनयतात. राष्ट्र निर्मितींत शिक्षक आनी शिक्षणतज्ञांनी केल्या म्हत्वाच्या भुमिकेखातीर हो दीस मानतात. ह्या निमतान राष्ट्रपती मुर्मू आयज सकाळीं नवी दिल्लींत 48 शाळेच्या शिक्षकांक 'राष्ट्रीय शिक्षक पुरस्कार' भेटयतल्यो. वेंचून काडिल्ले 48 शिक्षक 27 राज्यां, सात केंद्र शासित प्रदेश, आनी स केंद्र सरकारी संस्थांतले आसात. तशेंच उच्च शिक्षण संस्था आनी पॉलिटेक्निकांतल्या 21 शिक्षकांक आनी प्राध्यापकांक राष्ट्रपती राष्ट्रीय पुरस्कार दितल्यो. ह्या पुरस्कारां खातीर वेंचून काडिल्ल्या लोकां मदीं केंद्रीय उच्च शिक्षण संस्थांचे 12 शिक्षक आनी प्राध्यापक, तीन सरकारी आनी दोन खाजगी म्हाविद्यालयां सयत राज्य विद्यापिठांतले पांच शिक्षक, आनी दोन सरकारी आनी दोन खाजगी पॉलिटेक्निकांतले चार शिक्षक हांचो आस्पाव जाता. तशेंच ह्या कार्यावळी वेळार दरेका पुरस्कार मेळोवप्याच्या उल्लेखनीय वावराचेर भर दिवपी लघुपट दाखयतले.

आयज नवी दिल्लींत जावपी 'श्री राम कॉलेज ऑफ कॉमर्स' (एसआरसीसी) च्या शंभराव्या वर्सुकी उत्सवांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी वांटो घेतलो. तशेंच ह्या प्रसंगाचेर ते मेळाव्याक संबोधीत करतले. दिल्ली विद्यापिठाचो एक भाग 'श्री राम कॉलेज ऑफ कॉमर्स' ही भारतांतली एक मुखेल उच्च शिक्षण संस्था आसा. वाणिज्य, अर्थशास्त्र, वेवस्थापन ह्या मळार शिकपाखातीर हें एक प्रतिश्ठीत केंद्र.

उपराष्ट्रपती सी.पी.राधाकृष्णन आयज तमिळनाडूंतल्या चेन्नय शारात दीसभर भोंवडी करतले. ह्या भेटी वेळार उपराष्ट्रपती इंडिया वाल्व्स 2026 ह्या राष्ट्रीय शिक्षणीक बसकेंत वांटो घेतले, जी व्हॅल्व्हयुलर आनी संरचनात्मक काळजाच्या दुयेंसांचेर उपचार मुखार व्हरपाचेर केंद्रीत आसा. तशेंच ते चेन्नयच्या गुइंडी हांगा इंडिया व्हॅल्व्ह रजिस्ट्री सुरू करतले. उपराष्ट्रपती फुडें चेन्नयच्या वल्लूवर कोट्टम हांगा दीनामालर दिसाळयाच्या प्रकाशनाक 75व्या वर्सा यादस्तीक टपाल शिक्को प्रकाश सुवाळयाच्या कार्यावळीक हाजीर रावपाचे आसात.

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा आजसावन गोयच्या तीन दिसांच्या दौऱ्यार आसात. गृह मंत्रालयाच्या वेगवेगळ्या विभागांकडे संबंधित गोयातल्या मुद्द्यांचेर चर्चा करपाक शहा एका बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळतले. उपरांत अंमली पदार्थांच्या विषयार ते पत्रकार परिषदेत उलयतले. सांजे मंत्री शहा 'अटल भवन'हांगा भाजपच्या नवनिर्मित राज्य कार्यालयाच्या इमारतीचे फाल्या उक्तावण करतले. तशेच, ते पक्षाच्या राज्य कोअर कमिटीच्या बसकेच्या अध्यक्षपदार आसतले. सोमारा, केंद्रीय घरमंत्री 'वेस्टर्न झोनल कौन्सिल'ची बसका आणि गोवा पोलिसांच्या 'प्रेसिडेंट्स कलर्स' पुरस्कार सुवाळो या कार्यक्रमांक उपस्थित रावतले.

नेपाळातल्या हुंवार ग्रस्त त्रिशुली बाजार वाठारातल्यान पाच वर्षांच्या भुरग्या सयत आनीक तीन भारतीय नागरिकांची सुटका केल्या अशे विदेश वेव्हार मंत्रालयान सांगला. हाका लागुन, सुरक्षित भायर काडील्या भारतीयांची एकूण संख्या एकशे एकोणसत्तराचेर पावल्या. नवी दिल्लीत काल प्रसारमाध्यमांक माहिती दितना विदेश वेव्हार मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जयस्वाल हाणी भारतीय नागरिकांच्या सुरक्षिततेविशी सविस्तर माहिती दिली.

ह्या म्हयन्याच्या 9 आनी 10 तारखेक जावपी इंग्लीश, वाणिज्य, आनी समाजशास्त्रांतल्या यूजीसी-नेट परिक्षांचे प्रवेश कार्ड राष्ट्रीय चांचणी एजन्सी कडल्यान जारी केल्यात. उमेदवार आपले लॉगीन प्रमाणपत्र वापरून ugcnet.nta.nic.in ह्या संकेतथळा वयल्यान आपले प्रवेश कार्ड डाउनलोड करूंक शकतात. प्रस्नपत्रिकांतल्या जायत्या चुकां विशीं कागाळी आयिल्ल्यान एनटीएन इंग्लीश, वाणिज्य आनी समाजशास्त्र- ह्या तीन विशयांची परतून परिक्षा जाहीर केल्ली. इंग्लीश परिक्षा 9 सप्टेंबराक सकाळीं 9:00 ते 12:00 मेरेन पयल्या सत्रांत जातली, जाल्यार वाणिज्य परिक्षा त्याच दिसा दनपारां 3:00 ते 6:00 मेरेन दुस-या सत्रांत जातली. समाजशास्त्राची परिक्षा 10 सप्टेंबराक सकाळीं 9:00 ते दनपारां 12:00 मेरेन पयल्या सत्रांत जावपाची आसा.

बॅडमिंटनांत आयज शेनझेनांत जावपी चीन मास्टर्स सर्तीच्या उपांत्य फेरयेंत भारतीय दादल्यांच्या डबल्साची जोडी-सत्विकसैराज रँकिरेडी आनी चिराग शेट्टी-मलेशियांतल्या नूर मोहम्मद अझरीन अयुब आनी तान वी किओंग ह्या जोडये आड झुजतली. काल उपांत्य पुर्व

फेरयेंत भारतीय जोडयेन डेन्मार्कचो किम आस्ट्रुप आनी अँडर्स स्कारुप रासमुसेन हांकां 21-13, 16-21, 21-18 अशा सेटांनी हारयलो. ह्या जैताक लागून सात्विक आनी चिराग सलग चवथे खेपे चायना मास्टर्स उपांत्य फेरयेंत पावल्यात.

मजगतीं, तांचे मलेशियन विरोधक अझरीन अयुब आनी तान वी किओंग हांणी इंडोनेशियन जोडी साबर कार्यामान गुतामा आनी मोह रेझा पहलेवी इस्फाहानी हांचे जोडयेक 21-17, 16-21, 21-19 अशा गूणांनी हारयले. ह्या जैताक लागून 'सुपर 750' सर्तीच्या उपांत्य फेरयेंत पयली सुवात मेळ्ळी.

पूण एकेरी सर्तींतली भारताची मोहीम सोंपल्या; दादल्यांच्या एकेरी उपांत्य पुर्व फेरयेंत किदम्बी श्रीकांत हांग्कांगच्या ली चेउक य्यू हाचेआड हारलो जाल्यार बायलांच्या एकेरी सर्तींत जपानाची तोमोका मियाझाकी हांचे आड तनवी शर्मा हिका हार खावची पडली.

बायलांच्या क्रिकेटांत आयज रातीं दुबय आंतरराष्ट्रीय स्टेडियमाचेर टी-20 आशिया कपांतल्या निमाण्या 'ग्रुप अ' मॅचींत भारत आनी पाकिस्तान हांचे मदीं सामनो जातलो. ही मॅच राती 8 वरांचेर सुरू जातली.

थायलंड आनी हांग्कांगा आड फाटल्या दोन मॅचींनी जैत मेळोवन भारतान उपांत्य फेरयेंत सुवात मेळयल्या.

दुसरे वटेन पाकिस्तानान आतां मेरेन फक्त एकूच मॅच खेळ्ळ्या आनी थायलंडाचेर जैत मेळोवन आपली मोहीम सुरू केल्या. सध्या तांकां 'ग्रुप अ'त दोन गूण आसात आनी उपांत्य फेरयेंत पात्र थारपा खातीर उरिल्ल्या दोन मॅचींतल्यान आनीक फकत एक गूण जाय. गट टप्प्यांत तांची निमाणी मॅच हांग्कांगा आड जातली.

गुजरातांतल्या अहमदाबाद शारांत आयज संवसारीक तीरंदाजी पॅरा सीरीज 2026सुरू जाता. 19 देशांतले खेळगडे हे सर्तींत वांटो घेतात. भारतांत पयलेच खेपे 'संवसारीक तीरंदाजी पॅरा सिरिज' घडोवन हाडटा. ह्या माळेचो तिसरो पांवडो अहमदाबादच्या साबरमती रिव्हरफ्रंटाचेर जातलो आनी तो ह्या म्हयन्याच्या णव तारकेमेरेन चालू आसतलो.

केंद्रीय गृह आनी सहकार मंत्री अमित शाहा हाणी काल सांजवेळा व्हर्च्युअली सर्तीचें उक्तावण केलें. अमित शाहान ह्या सभाक संबोधीत करतना भारत संवसारीक खेळां केंद्र जावपाचे

दिकेन वता अशें सांगलें. सरकाराचो हेतू फकत चड पदकां मेळोवप न्हय, तर ऑलिंपिक, आशियाई खेळ, राष्ट्रकुल खेळ, पुलीस खेळ, आनी हेर मुखेल सर्तींनी दिसून येवपी सगळ्या खेळांखातीर खेळगडे तयार करप आसा अशें मंत्री शहा हाणी सांगले. भूतान, युनायटेड किंगडम, चीन, बांगलादेश, फ्रांस, जर्मनी, इंडोनेशिया अमेरिकेसयत वट्ट 19 देशांतले खेळगडे ह्या सर्तींत वांटो घेतात असो उल्लेख अमित शाहान केला.